## राज्यांतल्या लोकांक भ्रश्टाचारमुक्त प्रशासन दिवपाक सरकार कटीबद्द - मुख्यमंत्री

## मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं दक्षताय जागृताय सप्तकाचे उक्तावण

ता. 26 ऑक्टोबर 2021

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी राज्यांतल्या लोकांक भ्रश्टाचारमुक्त प्रशासन आनी बरी सेवा दिवपा खातीर राज्य सरकार कटीबद्द आशिल्ल्याचे सांगून भ्रश्टाचार पयस करून प्रशासनात पारदर्शकता हाडपाची आनी मानवी विकासाआड येवपी अडथळें पयस करपाची गरज उक्तायली.

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत आयज दक्षताय संचालनालयान पर्वरे सचिवालयांतल्या परिशद सभाघरांत आयोजीत दक्षताय जागृताय सप्तकाचे उक्तावण केले उपरांत उलयताले.

मुख्यमंत्र्यान फुडें उलयताना एकात्मतेचो सोपूत घेवपाचे म्हत्व उक्तायतना सरकारी अधिकाऱ्यांनी आपल्या पुराय सेवाकाळांत ताका पाळो दिवपाक सांगलें. आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय अभियानाचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान सांगलें, की प्रधानमंत्री श्री. नरेंद्र मोदी हांणी हालीच सगळें स्वयंपूर्ण मित्र आनी स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाचो लाव घेतिल्ल्या सगळ्यां सातय लावधारकांकडेन व्हर्च्युअल पद्दतीन संवाद सादला आनी सातय लावधारकांचो व्हिडिओ आपल्या ट्विटर अकाउंटाचेर अपलोड केला आनी गोंय हे देशांतल्या हेर राज्यांखातीर रोल मॉडेल थारलां, अशें सांगलें.

मुखेल सचीव श्री. परिमल राय हांणी ह्या वेळार सरकारी सचीव, खातें प्रमुख आनी अधिकाऱ्यांक एकात्मतेचो सोपूत दिलो.

सुरवातीक मुख्यमंत्र्यान सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या फोटवाक फुलाहार घातलो, जांच्या जयंती दिसासावन दक्षताय जागृताय सप्तक पाळपात येता.

मुख्यमंत्र्यान आत्मनिर्भर भारत, स्वयंपूर्ण गोंय उपक्रमाखाला सरकारी अधिकाऱ्यांनी स्वयंपूर्ण मित्र म्हूण केल्ल्या कामाचीय तोखणाय केली. गोंय मुक्तिचे 60वे वर्स आनी देशाच्या स्वतंत्रतायेचो अमृत महोत्सव मनयताना आमी मानवी विकासाचेर चड भर दिल्ल्याचे सांगून भ्रश्टाचाराक कुशीक दवरपाची गरज मुख्यमंत्र्यान उक्तायली.

मुखेल सचीव श्री. परिमल राय, प्रधान सचीव श्री. पुनीत कुमार गोयल, पुलीस अधिक्षक श्री. सेराफिन डायस, दक्षताय खात्याचे संचालक श्री. संजीव जी. देसाय, विशेश सचीव श्रीमती अंकीता आनंद आनी हेर अधिकारी ह्या वेळार हजर आशिल्लें.

श्री. संजीव गांवस देसाय हांणी सुरवातीक कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्ल्यांक येवकार दिलो जाल्यार श्री. सेराफिन डायस  हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/890

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji